प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष  यु मीन ऑंग लायंग हांची आयज नवीदिल्लींत द्विपक्षीय मुध्यांचेर भासाभास जाली.दोनी देसांमदले इतिहासीक आनी सांस्कृतीक संबंद अदीक घटमूट करपाचे हेतान ही बसका जाली.बसकेंत वेपार आनी अर्थीक संबंद, संरक्षण आनी सुरक्षा संबंधीत मुध्दे,शीम वेवस्थापन,उदरगत पालव,सांस्कृतीक देणे घेणे, तशेंच प्रादेशीक परीस्थिती आदी मुध्यांचेर भासाभास जाली.राष्ट्राध्यक्ष यू मीन ऑंग लायंग आयज नवीदिल्लीतल्या राय पिथोरा सांस्कृतीक  संकुलांतल्या प्रकाश आनी कमळ:जागृत व्यक्तीचे अवशेश ह्या प्रदर्शनाक भेट दितले. ते भारत देसाच्या  पांच दिसाच्या भोंवडे खातीर शेनवाराक भारतांत आयल्यात.

जलशक्तीमंत्री सी आर पाटील आनी विध्यान,तंत्रगिन्यानमंत्री दो.जितेंद्र सींग हाणी आयज नवी दिल्लींत जल क्षेत्रांतल्या संशोधन आनी उदरगतिवयल्या राष्ट्रीय  कार्यशाळेचें उग्तावण केलें. हे कार्याशाळेंत उदका उणावाचेर आनी ताच्या वयल्या उपायांचेर खोलायेन भासाभास जातली  अशें मंत्री पाटील हाणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 2047 वरसामेरेन विकसीत भारत साकार करपाचें सपन साकार करपा खातीर अभूतपूर्व नव कल्पनाशक्त आनी नव्या तंत्र गिन्यानाचें एकत्री करण भोव मोलाचें थारतलें अशें ताणी सांगलें.

केंद्रीय कृषीमंत्री शिवराज सींग चौहान हाणी आयज मध्य प्रदेशांतल्या रायसेन जिल्ह्यांतल्या रामसिया गांवांत देशव्यापी खेत बचाव अभियान सुरु केलें. हें अभियान म्हयन्या चलतलें. शेत जमनीचें संरक्षण करपाक आनी शेतकारांमदीं शास्त्रीय शेतीक उर्बा दिवप हो ह्या अभियानाचो मुखेल हेत आसा. खेत बचाव अभियान हें माती आनी शेत जमनिच्या संरक्षणा खातीर आसा देखून शेतकारांनी रासायनीक सूर्याचो वापर मर्यादेंत रावून करचो अशें आवाहन मंत्री चौहान हाणी हे वेळार उलयतना  केलें. हे  मोहिमेत कृषी विध्यापिठां, भारतीय कृषी संशोधन परीषद,कृषी विध्यान केंद्रां आनी लोक प्रतिनिधी  वांटेकार जातले.

प्रधान मंत्री स्वनिधी येवजणेक आयज स वरसां पुराय जाल्यांत. हे येवजणेन तारण मुक्त रीण,अर्थीक समावेशन आनी उदरगतिच्यो नव्यो संदी उपलब्द  करून साबार पथविक्रेत्यांची जीण बदल्लया  अशें सांगून प्रधानमंत्र्यानी हे येवजणेची तोखणाय केली.ही येवजण विश्वास प्रतिश्ठा आनी सक्षमीकरणां जागयता अशें प्रधान मंत्र्यानी सोशल मिडियावयल्या एका पोस्टात म्हळां. ताणी हे वेळार संबंदीत येवजणेच्या लाभार्थ्यांक परबी भेटयली. तांची उध्येगजकताय आनी दृढनिश्चताय सासणाची उरतली अशें सांगलें.

नामनेची गायिका सुमन कल्याणपुरकर हांकां काल तांच्या मुंबयच्या राबित्या घरांत मरण आयलें. मरणा वेळार तांची पिराय 89 वर्सांची आशिल्ली. 1950 ते  1970च्या दसकांत चित्रपट संगिताच्या मळार त्यो नामनेक  पाविल्ल्यो.28 जानेवारी 1937 दिसा बांगला देसांतल्या ढाका त जलमल्ल्या सुमन कल्याणपुरकर हाचो आवाजनामनेच्यो गायिका लता मंगेशकर हांच्या आवाजाकडेन जुळटालो. हिंदी आनी हेर भारतीय भासां वांगडाच ताणी मराठी संगितांतय भोव मोलाचें योगदान दिलां.

भारत ओमान व्यापक अर्थीक भागिदारी कबलात आयजसावनचलणुकेत आयल्या.हे कबलाती वरवीं  दोनय देसांमदले अर्थीक संबंद अदीक घटमूट जाल्यात अशें वाणिज्य आनी उद्योगमंत्री पियुश गोयल हाणी म्हळां. हे कबलाती वरवीं  नव्यो बाजारपेठो उकत्यो जावन ,निर्गतीक चालना मेळटली तशेंच गुंतवणूक आकर्शीत जावन रोजगार निर्मितीक गती मेळटली आनी देसांतले  विध्यार्थी, कारागीर महिला, शेतकार,नुस्तेंमारी तशेंच सुक्ष्म लघू आनी मध्यम उध्यगांक बरो लाव जातलो अशेंय मंत्री गोयल हाणी मुखार सांगले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी 22व्या,20 वर्सा पिरायेंत सकयल्ल्या आशियायी एथलेटिक्स वस्तादपण सर्तींत भारतीय पंगडान 10 भांगरापदकां सयत 19 पदकां जोडिल्ले खातीर पंगडाची तोखणाय केल्या.भारतीय एथलेटिक्सांनी जोडिल्लें हें जैत तरणाट्या खेळगड्यांची कुशळटाय आनी दृढनिश्चयतायेचें दर्शन घडयता. तातूंतल्यान फुडारांतय तरणाटे पिळगी प्रेरणा मेळयतली अशें प्रधानमंत्र्यानी आपल्या संदेशांत म्हळां.

भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात,केरळ, माहे लक्षद्वीप,नागालेंड मणिपूर,त्रिपुरा ओदिशा कर्णाटक,तामीळनाडू पुडुचेरी, आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.भारतीय हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण मध्य म्हाराष्ट्र ओदिशांत आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत गडगड जोगलां मारून पावस पडपाची अदमास आसा.तेच प्रमाण दिल्ली,हरीयाणा चंदिगड हिमाचल प्रदेश, बिहार झारखंड,उत्तर प्रदेश, अस्तंत राजस्थानांत फाल्यांमेरेन गडगड,जोगलां  आनी नेटाचें व्हारें व्हांवन पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.